## तालुका स्तरीय गायन सर्त

20 डिसेंबर 2023

रवींद्र भवन कुडचडें हांचे वतीन 26 आनी 27 जानेवारी 2024 हे दिसा दनपारां 03.00 वरां सावन रवींद्र भवन कुडचडें हांगा सांगें आनी केपें तालुका स्तरीय गायन सर्त आयोजीत करतले. ही सर्त दोन पिरायेच्या गटांत जातली ती म्हणल्यार 7 ते 18 (ज्युनियर) आनी 18 परस वयर (सिनियर) तशेंच दोनूय पिरायेच्या गटां खातीर 3 वर्ग आसतले 1) मराठी 2) हिंदी आनी 3) कोंकणी, एक वांटेकार फकत एकाच वर्गांत वांटो घेवंक शकता.

पयलें इनाम 7000/- रुपया, दुसरें इनाम 5000/- रुपया, तिसरें इनाम 3000/- रुपया, दोनूय पिराय गटां खातीर दरेकी 2000/- रुपयांचें दोन कॉन्सलेशन इनाम आनी दरेकी 1000/- रुपयांचें तीन कॉन्सलेशन इनाम आसतलें.

श्री. जयकुमार खांडेकार, श्री. राजू नायक आनी श्री. फेलिक्स फर्नांडीस हे कार्यावळीचे निमंत्रक आसात.

ऑडीशन फेरी आयतारा 14 जानेवारी 2024 दिसा सकाळीं 10.00 वरां सावन जातली आनी वेंचून काडिल्ल्या सर्तकांक 21 जानेवारी 2024 दिसा संगीत तालीम सत्राक सक्तीन हाजीर रावचें पडटलें ना जाल्यार प्रवेश सर्तींतल्यान अपात्र थारतलो.

निमाणी फेरी 26 जानेवारी 2024 दिसा ज्युनियर आनी सिनियर मराठी आनी कोंकणी खातीर जातली. ज्युनियर आनी सिनियर हिंदी 27 जानेवारी 2024 दिसा जातली. ही सर्त रवींद्र भवन कुडचडेंच्या सभाघरांत दोनूय दीस दनपारां 03.00 वरांचेर जातली.

रवींद्र भवन कुडचडेंच्या कार्यालयांत कामाच्या वेळार प्रवेश फॉर्म उपलब्ध आसात. योग्य रितीन भरिल्ल्या प्रवेश फॉर्म सादर करपाची निमाणी तारीख 05 जानेवारी 2024 सांजवेळा 04.00 वरां पयलीं आसतली आनी ते उपरांत खंयच्याच नोंदणीची दखल घेवची नात.

**डीआय/एनबी/पीएन/एसएफ/यूएच/2023/**

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.